Aakashvani Panaji

Regional news

7.20 pm 19th December 2025

विकसित भारत 2047 करतना गोंय राज्याक 2037 विकसित गोंय करपाचे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी गोंय मुक्तीदिसाच्या शासकीय कार्यावळीत उलयताना गोंयकारांक केला.गोंयच्या गिरेस्त दायजांक सामाळांत,तशेचं गोंय नितळ, सोबित आनी पाचवेचार दवरपाक प्रत्येक गोंयकाराक कर्तव्य आनी जापसालदारकीन वागचे अशेय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान समेस्त गोंयकारांक केला. गोंय राज्याक 64 वो मुक्ती दिस मनयतना आयज शैक्षणिक, सादन सुविधाचेया पांवडयार, तशेंच बऱ्या दर्जाचे जीवनशैली जगता, राज्याचे दर डोई उत्पन्न हेर राज्याच्या तुळेत चड आसा,तशेंच शेतकी, फलोत्पादन, फुलोत्पादन, नुस्तेमारी, दुंद उत्पादन, मनीसबळ प्रशिक्षण,उद्देगिक मळा,बरी भलायकी सुविधा आनी एक बरे पर्यटन थंळ म्हण साकारला अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.गुलामी तशेंच पारधार्जिपणा मानसिकतेआड गोंयात वाव ना अशेय तांणी ह्यावेळार खासा नमुद केला. गोंयचे गोंयकापण तिगोवन दवरपाक गोंयकारांनी एकात्मतेन रावचे अशेय आवाहन तांणी ह्यावेळार केला. गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेंर गोंय मुक्तीदिसाची ही सासकीय कार्यावळ जाली. कार्यावळीची सुरुवात तिरंगो बावटो हुबोवन जाले. ह्यावेळरा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पुलिस,उजो पालोवपी दळाचे जवान, होमगार्ड , आनी विदयार्थीच्या परेडिचे परीक्षण केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या संदेशांत , गोंय मुक्ती दीस अन्याया आड धैर्यपूर्ण संघर्श याद करून दिता आनी गोंयच्या उदरगतीक बेळगे दिता . केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान हानि ज्या स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांच्या बलिदानाक लागून गोंयचें भारतांत एकीकरण जालें, तांकां पाणी मानवंदना दिल्यात .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां अस्तंत बंगालाचा भेटीर आसतले . प्रधानमंत्री आपल्या भेटी वेळार नादिया जिल्ह्यांतल्या रानाघाटा हांगा राश्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचे बुन्यादि फातर बसयतले आनी उक्तावण करुन सभेंत उलोवप करतले. सुमार 3200 कोटी रुपया मोलाच्या दोन राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण ते करतले. हे प्रकल्प कोलकाता आनी सिलिगुरी हांचे मदीं एक म्हत्वाचो जोडणी आसतले . प्रवास वेळ सुमार दोन वरां उणो करपाक ते मदत करतले, जाका लागून

वाहनांचो वेगान आनी सुगम हालचाल सुनिश्चीत जातलो. तशेंच प्रधानमंत्री फाल्यां सावन दोन दिसांच्या आसामाच्या भोंवडेर  आसतले

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसीत भारत आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांच्या स्वयंपूर्ण गोंयचीं सपनां साकार करपा खातीर सगळया गोयाच्या लोकांनी हातात हात मेळोवन एकठांय फुडाकार घेवप गरजेचें अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी आयच्या गोंय मुक्ती दिसा प्रसार माध्यमांकडेन उलयताना सांगलें. भारत एक सुपर पॉवर आनी संवसारांतलो सगळयांत बरो देश जावचो ही सगळया देशांतल्या लोकांची इत्सा आसा आनी ही इत्सा पुराय करपा खातीर यत्न करचे पडटले अशें तांणी सांगलें.दक्षिण गोंय जिल्लो प्रशासन इमारतीच्या आवारांत गोंयच्या 64व्या मुक्ती दिसा निमतान बावटो उबारल्या उपरांत कामत हांणी सलामी  स्वीकारली आनी उपरांत पुलीस पंगड, होमगार्ड आनी एनसीसी कॅडेट आनी शाळेंतल्या विद्यार्थ्यांची, आनी उजो पालोवपी दळाच्या पंगडाची परेड पळोवणी केली. उपरांतच्या सांस्कृतीक कार्यावळींत वेगवेगळया शाळांतल्या  विद्यार्थ्यांनी देशभक्तीचीं गितां सादर केलीं.  लोकनाच आणि मल्लखांब प्रात्यक्षिकाय ह्या वेळार सादर केली.ह्या सुवाळयाक कुडतरीचे आमदार अलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स, मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकर, नगरसेवक, सुटके झुजारी, दक्षिण गोयाच्यो जिल्लोधिकारी एगना क्लेटस, दक्षिण गोंयचो पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

राज्यसभा खासदार सदानंद शेत तनावाडे हांणी केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळ मंत्री डॉ.मनसुख मांडाविया हांका गोंयची खेळा मळावेली साधन सुविधांची उदरगत करची असी मागणी करपी निवेदन भेटयला. ह्या निवेदनांत तानावाडे हांणी तायक्वोंडो , बॅडमिंटन, टेबल टेनिस, टेनिस, स्क्वास, पिकलबॉल, ह्या खेळांत भारताची कामगिरी स्थिरपणान सुदारत आसा आनी गोंयांत वर्सांन वर्स जायते प्रतिभावान खेळगडे तयार जाल्यात अशें खासदार तानावडे हांणी मंत्री मनसुख मांडविया हांच्या ह्या निवेदनाच्य माध्यमातल्यान नदरेक हाडला. गोंयांतल्या एस.ए.आय प्रशिक्षण केंद्रांत तायक्वोंडो परतून सुरू करपाचो विचार करचो आनी सद्याचे सुविधा प्रभावीपणान वापरून बॅडमिंटन, टेबल टेनिस, टेनिस, स्क्वास आनी पिकलबॉल अशा मुखेल रॅकेट खेळां खातीर उत्कृश्टताय केंद्रां स्थापन करची अशी विनंती तांणी मंत्रालयाक केल्या. ऑलिंपिक आनी हेर आंतरराष्ट्रीय सर्तींचे नदरेन प्रगत आनी आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावेल्या प्रशिक्षण सुविधांची गोंयात  गरज आसा अशे तानावडे हांणी म्हणला.

गोंयांत शेनवारा  म्हणल्यारुच फाल्या पंचायत वेंचणुकेखातीर मतदान जातलें. 50 जिला पंचायती जाग्यां खातीर  ही वेंचणुक जातली. ही वेचंणुक 1,284 मतदान केंद्रांनी मतदान जावपाचें आसा. वट्ट 226 उमेदवार ह्यावेळार  वेंचणुकेच्या मैदानात देवल्यात . जाल्यार जिल्हो पंचायत  वेचंणुकेत 8,69,356 मतदार आपली मताधार हक्क फाल्या निभयतले.जिल्हो पंचायत वेंचणुकेची मतमेजणी फुडल्या सप्तकात 22 डिसेंबराक म्हणल्यारुच मंगळारा जातली.हे फावट भाजप, गोवा फोवर्ड, आप, तशेचं  रेव्हुलेशनरी गोवन्स ह्या पक्षासयत , अपक्ष उमेदवार  जिल्हो पांचयत वेंचणुकेत देवल्यात. जाल्यार हे फावटच्या वेंचणुकेत उमेदवार म्हण चडशी नवी मुखामळा फुड्यान आयल्यात. ह्या वेंचणुकेचो नेट सध्या गोंयच्या साबार वाठारांनी पळोवपाक मेळटा. जाहीर प्रचार बिरेस्तारा सकाळीं सोंपले उपरांत मतदानाच्या आदल्या दिसा उमेदवारांनी मतदारांच्यो वयक्तीक भेटी घेवपाचेर भर दिली. प्रचारा वेळार खंयसरूच वाद आनी हिंसक घडणुको घडूंक ना. शुक्रारा मतदान केंद्रांचेर मतपत्रिका तशेंच हेर सामान धाडपाचें काम चालू आशिल्लें. उत्तर आनी दक्षिण गोय जिल्हा पंचायतीच्या दरेकी २५ म्हळयार वट्ट ५० जाग्यांखातीर फाल्या मतदान जातले. मतदान केंद्रांचे अधिकारी मतदान पेटयो आनी हेर सामुग्री घेवन 1,284 मतदान केंद्रांचेर पावल्यात. वेंचणूक अधिकाऱ्यांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण वेंचणुके खातीर 6,420 वेंचणूक अधिकारी आनी सुमार 4,000 पुलीस कर्मचाऱ्यांची तैनाती जाल्या. फाल्या सकाळीं ८ वरांचेर मतदान सुरू जातलें आनी सांजे ५ मेरेन चलतलें. फाल्यांचे मतदान मतपत्रिकां वरवी जातलें.

गोंय मुक्ती दिसाच्या शासकीय कार्यावळीत आयज पुलिस खाते, उजो पालोवपी दळ, होम गार्ड, आनी नागरी संरंक्षण मळार स्वयंसेवा करुन बरी कामगिरी केल्ले खातीर आयज  मुखेलमंत्री पदक फावो  दिल्या.  पुलिस खात्यातले  उप अधिक्षक सागर एकोस्करा, राजेश कुमार,  तशेचं  सदिक्षा नायक, सुभाश मालवणकार, भालचंद्र सावंत, मेलविन  डायस  जाल्यार उजो पालोवपी दळाचे जवान आशिल्ले  निलेश फर्नाडीस, जंगा गोहर, अनिकेत आमोणकार, अविनाश गांवकार, होमगार्ड मळावेले राम कांबळी , विद्या तलवार,  तशेंच नागरी संरंक्षण स्वयंसेवा मळार रुपेश वरगांवकार, आनी एडवोकेट हर्शा नायक हांका मुखेलमंत्री पदक फावो जाला. मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्या मानेस्तांक आयज ही पदका भेटयली.

नव्या पिळगेच्या  फास्ट गस्त जहाजांचें तिसरें जहाज भारतीय दर्यादेग राखण- आयसीजी शिप अमुल्या आयज गोंयांत सुरू जालें. गोवा शिपयार्ड लिमिटेड- जीएसएल कंपनीन देशीपणान बांदिल्ल्या ह्या एकावन्न  मीटर लांबायेच्या ह्या जहाजांत 60 टक्क्यां परस चड देशी घटक आसात अशी म्हायती संरक्षण मंत्रालयान दिल्या. आत्मनिर्भर भारत आनी मेक इन इंडिया उपक्रमां खाला संरक्षण उत्पादनांत भारताची वाडत आशिल्ली आत्मनिर्भरताय हाचे वयल्यान दिसून येता अशें तातूंत म्हणलां.  सुरक्षीत आनी निवळ दर्या खातीर कोस्ट गार्डाच्या वचनबद्धतेचें प्रतीक आसून अमुल्या अशें नांव दिलां. ह्या जहाजाक 3,000 किलोवॅट डिझेल इंजिनांनी चालना मेळटा, जाका लागून 27 गांठींचो गती आनी 1,500 दर्या मैलांची कार्यक्षमताय मेळटा.

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान कांय बदलां सयत बारावेच्या परीक्षेचे अंतीम वेळापत्रक नव्यान जाहीर केलां. ही परीक्षा १० फेब्रुवारी ते २७ फेब्रुवारी २०२५ मजगती जातली. ह्या परीक्षे संदर्भातले सगळे नेम आनी अटी मंडळान आपल्या संकेत थळाचेर जाहीर केल्यात. परीक्षा दर दिसा सकाळी ९. ३० वरांचेर सुरू जातली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चंडांत चड तापमान    ३2.7  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उनयात उणे 18.1 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

बी.एस.पी. क्रिकेट स्टेडियमाचेर विजय मर्चेंट ट्रॉफी 16  वारसा सकयल्या सर्तींत गोंय आनी आंध्र हांचें मदीं मॅच चालू आसा.